**सरदार वल्लभभाई पटेल हांच्या 150 व्या जयंती निमतान आयज पणजे एकता दौड पदयात्रा जाली**

ता. 12 नोव्हेंबर 2025

खेळां आनी युवा वेव्हार संचालनालयान आयज पणजे विविध शिक्षणीक संस्थां आनी एनएसएस विद्यार्थ्यां खातीर 'सरदार @ 150 एकता दौड' पदयात्रेचे आयोजन केल्ले. पणजेच्या आझाद मैदानाचेर एकता दौड पदयात्रा सुरू जावन मिरामार सर्कला लागी पदयात्रेचो समारोप जालो. विद्यार्थ्यांक आत्मनिर्भर भारताचो सोपूत दिलो, तशेंच विद्यार्थ्यांनी वंदे मातरम् गीत गायले.

उत्तर गोंय जिल्हो पंचायत अध्यक्ष श्री. धाकू मडकईकर कार्यक्रमाक मुखेल सोयरे म्हूण उपस्थित आशिल्लें. तांणी आपल्या उलोवपात मजबूत आनी संघटीत राष्ट्रा खातीर विद्यार्थ्यांनी सरदार वल्लभभाई पटेल हांच्या आदर्श मुल्यांची देख घेवन फुडें वचपाचो उलो मारलो.

भारताचे लोहपुरूष सरदार वल्लभभाई पटेल हांच्या 150 व्या जयंती निमतान राष्ट्रीय एकता, राष्ट्र बांदणी आनी खास करून युवकांमदी नागरी जापसालदारकीची भावना वाडोवपा खातीर एकता दौड आयोजीत केल्ली.

खेळां सचीव श्री. संतोष सुखदेव , सहाय्यक संचालक दिनेश देसाय आनी हेर मानेस्त ह्या वेळार उपस्थित आशिल्लें.

सुरवातीक खेळां आनी युवा वेव्हार संचालनालयाचे संचालक डॉ अजय गावडे हांणी उपस्थितांक येवकार दिलो. जाल्यार उपसंचालक डॉ विवेक पवार हांणी निमाणे उपकार मानले.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/872

--

-----------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.